# नवी दिल्लीत आंतरराष्ट्रीय वेपार मेळाव्यात गोंयचो सहभाग

ता. 11 नोव्हेंबर 2024

फाटल्या वर्सा प्रमाण ह्या वर्साय गोंय राज्य देशाची राजधानी नवी दिल्लीतल्या भारत मंडपात 14 ते 27 नोव्हेंबर 2024 मेरेन आयोजीत केल्ल्या 43 व्या भारतीय आंतरराष्ट्रीय वेपार मेळाव्यात सहभागी जातले. “Viksit Bharat @2047” अशी ह्या वर्साच्या भारतीय आंतरराष्ट्रीय वेपार मेळाव्याची संकल्पाना आसा.

43 व्या भारतीय आंतरराष्ट्रीय वेपार मेळाव्यात म्हायती आनी प्रसिध्दी खाते नोडल एजन्सी म्हूण पर्यटन खाते, हस्तकला, टॅक्सटायल आनी कॉयर, गोंय पर्यटन विकास म्हामंडळ, उद्देगीक विकास म्हामंडळ, नियोजन आनी सांख्यिकी, गोंय राज्य जैवविविधताय, कोयर वेवस्थापन, विज्ञान आनी तंत्रज्ञान खाते आनी गुंतवणूक प्रोत्साहन मंडळा सयत ह्या मेळाव्यात सहभागी जातले.

गोंयच्या पेव्हेलीनाक भेट दिवपी वेवसायिक, वेपारी, उद्देजक आनी लोकांक गोंयची प्रगती, गोंयांत गुंतवणूकी खातीर उपलब्ध आशिल्ल्यो साधनसुविधां, पर्यटन, गोंयची खाणां-जेवणां, सरबराय, कला- संस्कृती आनी हेर सुविधांची म्हायती प्रदर्शनातल्यान दिवपात येतली.

तशेंच प्रत्येक दिसा गोंयच्या कलाकारांवतीन गोंयच्या पारंपरीक कला आनी संस्कृतीचेर कार्यक्रमांचे सादरीकरण करपात येतले.

भारत मंडपात 203 चौ. मी. क्षेत्रांत उबारिल्ल्या गोंयच्या दालनाचे उक्तावण 14 नोव्हेंबराक म्हायती आनी प्रसिध्दी खात्याचे संचालक श्री. दीपक बांदेकर हांच्या हस्तुकीं जातले. 27 नोव्हेंबराक 43 व्या भारतीय आंतरराष्ट्रीय वेपार मेळाव्याचो समारोप जातलो.

म्हा /सप/ / विगां/ 2024/624

--

---

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,

Near Azad Maidan,

Panaji – Goa.